राष्ट्रपती झारखंड -

उच्च शिक्षणांत, कृत्रिम बुध्दी (एआय) एकठांय हाडपाखातीर, केंद्र सरकार सक्रिय पावलां उबारता, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हिणे सांगलें. आयज दनपारां रांचींत, बिर्ला इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी (बीआयटी) मेसराच्या प्लॅटिनम महोत्सवाच्या उत्सवांत उलयतना, राष्ट्रपती मुर्मू हिने सांगले, कि एआय आनी मशीन लर्निंगांतल्या म्हत्वाच्या प्रगतींतल्यान, फुडाराक मोठे बदल घडटले. 'विकसीत भारत' उबारपाक, तरणाट्यांची उमेद आनी वचनबद्धताय म्हत्वाची भुमिका साकारतली. राष्ट्रपती मुर्मू हांणी मुखार सांगलें, कि नवनिर्माण करप्यांनी आनी उद्देजकांनी, पारंपारीक समाजाच्या गिन्यानाच्या आदाराचेर, दुर्लक्ष करचें न्हय. बायलां सशक्तीकरणा विशीं उलयतना तिणे सांगलें, कि विज्ञान, अभियांत्रिकी, तंत्रगिन्यान, गणित ह्या मळार चलयो फाटीं नात. शिक्षण आनी नवनिर्माणांत, 70 वर्सां उत्कृश्ट कामगिरी पुराय केल्ल्या, बीआयटी मेसराच्या गिरेस्त दायजाविशी तिणें अभिमान उक्तायलो. अभियांत्रिकी संस्थेचो स म्हयन्यांचो उत्सव, अंदूं 15 जुलय मेरेन चालू उरतलो. दोन दिसांच्या भेटीर राष्ट्रपती काल रांचीत, पावल्यो.

----------------

नुस्तें उत्पादन - 90

फाटल्या धा वर्सांत, देशांतलें नुस्त्याचें उत्पादन दुपेटीन वाडलां. नुस्तेमारी मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, नुस्त्याचें उत्पादन 2013-14 वर्सा 95 लाख टन आशिल्लें तें 2023-24 वर्सा 184 लाख टन परस चड जालां. भारत हो नुस्तें उत्पादन करपाक, दुसऱ्या क्रमांकार आसा. संवसारीक नुस्त्याच्या उत्पादनांत, भारताचो सुमार आठ टक्के वांटो आसा, अशें मंत्रालयान सांगलां. तशेंच फाटल्या दोन दशकांत, भारताच्या नुस्तेमारी क्षेत्रांत म्हत्वाची वाड आनी परिवर्तन जाला. केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025-26 वर्सा, नुस्तेमारी क्षेत्राखातीर आतां

मेरेनचो सगळ्यांत चड, दोन हजार 703 कोटी रुपया परस चड, वट्ट वर्सुकी अर्थसंकल्पीय आदार, प्रस्तावीत केल्लो.

-----------

महाकुंभ बस-

प्रयागराजांतल्या महाकुंभांत व्हडा प्रमाणांत, भक्त येवपाची अपेक्षा दवरून, उत्तरप्रदेश येरादारी म्हामंडळान, फुडल्या 3 दिसांत 2 हजार 250 अतिरिक्त बशी सुरू करपाची घोशणा केल्या. आयज दनपारां 12 मेरेन, 73 लाखां परस चड लोकांनी, संगमांत पवित्र स्नान केले, अशी म्हायती आमच्या खबरांकारान दिली.

महाकुंभ खातीर सप्तकाच्या शेवटाक, व्हड प्रमाणांत भक्त प्रयागराजाक पावपाची शक्यताय आसा. प्रवाशांची येरादारी खातीर, राज्य येरादारी म्हामंडळान अतिरिक्त बशींची वेवस्था केल्या. उत्तर प्रदेशाचे येरादारी राज्यमंत्री दयाशंकर सिंग हांणी, प्रयागराजाच्या वेगवेगळ्या तात्पुरत्या बस स्टेशनांचेर, अधिकारी दवरपाचे निर्देश दिल्यात, जाका लागून बशीं सुटसुटीतपणान चलूंक शकतल्यो. सुटयेच्या दिसांनी बशींचें येसस्वी संचालन करपा खातीर, कृती आराखडोय चालीक लायतले, अशें तांणी सांगलें. तांणी नोडल अधिकाऱ्यांक भक्तांक, सुरक्षीत आनी सोयीस्कर प्रवास सुनिश्चीत करपाचो निर्देश दिला. कसलीच कागाळ जाल्यार, नोडल अधिकाऱ्यांक जापसालदार धरतले.

मजगतीं, प्रयागराज संगम रेल्वे स्टेशन, आयज आनी फाल्यां बंद उरतलें. भक्तांच्या सुरक्षीत येरादारीखातीर रेल्वे स्टेशन बंद दवरला, अशे प्रयागराज जिल्लो दंडाधिकारी रविंद्र कुमार मदांद हांणी सांगलें.

--------------

दिल्लीचे मुख्यमंत्री म्हणून आपाचे निमंत्रक अरविंद केजरीवाल हांचे निवासस्थान आशिल्ल्या 6, फ्लॅगस्टॅफ रस्त्याच्या बंगलोच्या बांदकामांत आनी नवनिर्माणांत केल्ल्या आरोपांची चवकशी करपाचो आदेश केंद्रीय सतर्कता आयोगान दिला.

भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी दिल्लीचे आमदार विजेंद्र गुप्ताचे कागाळीचेर चवकशी करपाक केंद्रीय भौशीक बांदकाम खात्याक सीव्हीसीन सांगलां. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना श्री गुप्तान सांगलें, सीव्हीसीन तथ्यांचेर आदारून लक्ष घेतलां. मुळांत बंगलाचो वाठार दोन एकरां परस उणो आशिल्लो, पूण लागसारचे बंगले आनी आठ टायप-5 फ्लॅट रिते करून तातूंत विलीन जाल्ल्यान सुमार आठ एकर मेरेन वाडली अशें तांणी सांगलें. ही सगळी रचणूक बेकायदेशीर आसा अशें तांणी सांगलें.

--------------

काल रातीं जर्मनींत जाल्ले म्यूनिक सुरक्षा परिशदेचे कडेक परराश्ट्र मंत्री डॉ. युक्रेन संघर्श सोडोवपा खातीर चालू आशिल्ल्या यत्नांचेर दोनूय फुडाऱ्यांनी चर्चा केली. भारत-युक्रेन द्‌विपक्षीय सहकार्याची आनीक उदरगत करपा विशींय तांणी उलयलें.

डॉ.जयशंकर हांणी एक्सचेर केल्ल्या पोस्टांत तांची चर्चा युक्रेनांत शांतताय हाडपाच्या यत्नांचेर केंद्रीत आशिल्ल्याचें नोंद केलां आनी भारत आनी युक्रेन हांचे मदलो द्‌विपक्षीय सहकार आनीक घटमूट करपाचे मार्ग सोदून काडले. मजगतीं, युक्रेनचो परराश्ट्र मंत्री आंद्री सिबिहा हांणी अर्थपूर्ण बसके खातीर परराश्ट्र मंत्री डॉ.

सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सिबिहान सांगलें, युक्रेन भारताच्या बळिश्ट जागतीक आवाजाचेर आदारून आसा आनी न्याय्य आनी टिकपी शांतताय मेळोवपाक मदत करता. वेपार, तंत्रगिन्यान, शेती, सुरक्षा ह्या सारक्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी भारता कडेन सहकार्य वाडोवपाची वांटून घेतिल्ली आवड सिबिहान उजवाडायली.